21 January 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- डोनाल्ड ट्रम्प हांणी आपल्या दुसऱ्या कार्यकाळा खातीर, अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष म्हणून, घेतलो सोपूत. अमेरिकेचो भांगराळो काळ सुरू जाता, अशे केले जाहीर. काल जायत्या कार्यकारी आदेशांचेर केली सय.
- प्रजासत्ताक दीसाच्या परेडित, अंदु भारताची सांस्कृतीक विविधताय आनी लश्करी पराक्रमाचे जातले प्रदर्शन.
- दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेची उमेदवारी फाटीं घेतल्या उपरांत, वट्ट 70 सुवातांखातीर 699 उमेदवार, वेंचणूक रिंगणात उरल्यात.
- ऑस्ट्रेलियन ओपन टेनिसच्या, क्वार्टर फायनलींत मिश्र दोट्टी सर्तींत, आयज सकाळीं रोहन बोपन्ना आनी झांग शुआय हांची भारत-चीन जोडी, जॉन पीयर्स आनी ओलिव्हिया गाडेकी ह्या ऑस्ट्रेलियन जोडये आड झुजतली.

ट्रम्प - 100

डोनाल्ड ट्रम्प हांणी, अमेरिकेचे 47वे राष्ट्राध्यक्ष म्हणून, आपल्या दुसऱ्या कार्यकाळा खातीर, सत्तेचो सोपूत घेतला. मुखेल न्यायाधीश जॉन रॉबर्ट्स हांणी काल रातीं, वॉशिंग्टन डी.सी.च्या कॅपिटल रोतुंडांत, सोपूत घेतलो. जेडी व्हॅन्स हाणें उप राष्ट्राध्यक्ष म्हूण सोपूत घेतलो. राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी आपल्या उक्तावण उलोवपांत, दर उणे करपाक मजत करपा खातीर राष्ट्रीय उर्जा आणीबाणी जाहीर केली, हें तांच्या प्रचारातले एक मुखेल आश्वासन आशिल्ले. तशेंच तांणी आपल्या मंत्रीमंडळाक, आपले व्हड अधिकार वापरून, मालाचो खर्च उणो करपाचे, निर्देश दिवपाचें उतर दिलां. अमेरीकेचें भांगराळें युग सध्या, ताच्या फुडारपणा खाला सुरू जाता, अशें जाहीर करून देशात नव्या अध्यायाची सुरवात

जाल्ल्यान, ताणें अमेरिकेक पयलें सुवातेर दवरपाची प्रतिज्ञा केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानी तांका पारंबी भेटायला.

ट्रम्प कार्यकारी आदेश -

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी आपल्या, दुसऱ्या कार्यकाळाच्या पयल्या दिसा जायत्या कार्यकारी आदेशांचेर स्वाक्षरी केल्या. काल रातीं, तांणी विक्रमी संख्येन कार्यकारी आदेशांचेर स्वाक्षरी केली. ह्या आदेशांची रुपरेखा दितना, राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी सांगलें, कि अमेरिकेच्या मेक्सिको कडेन आशिल्ल्या दक्षिण शिमेचेर, राष्ट्रीय आणीबाणी जाहीर करप, हें आपलें सगळ्यांत व्हडलें प्राधान्य आसा. तांणी सांगलें, सगळे बेकायदेशीर प्रवेश रोखडेच थांबयतले, आनी लाखांनी गुन्यांवकारी लोकांक, आयिल्ल्या सुवातेर परतून हाडपाची प्रक्रिया सुरू जातली. रोखडेंच शिमेचेर सैन्य तैनात करपाचो आदेश दितले. तशेंच ट्रम्प हांणी सांगलें, की ताच्या पयल्या दिसाच्या आदेशांत इमिग्रेशनाचेर आळाबंदा हाडप, जीवाश्म इंधन उत्पादन वाडोवप, पर्यावरणीय नेम फाटीं घेवप, म्हणल्यार 2021 वर्साचो पॅरिस हवामान कबलात, हांचो तातूंत आस्पाव आसा. अमेरीका परत एक फावट उत्पादन राष्ट्र जातलें आनी तेल आनी गॅस वापरतले, अशें ट्रम्प हांणी सांगलें. ताणें स्वाक्षरी केल्लो आनीक एक म्हत्वाचो आदेश म्हळ्यार "उलोवपाचें स्वातंत्र्य परतून मेळोवप आनी फेडरल सेंसरशिप सोंपवप." तशेंच आपल्या पयल्या दिसा दिल्ल्या आदेशांत, Gulf of Mexico क, the Gulf of America अशें नांव दिवपाची प्रक्रिया सुरू जातली, अशेंय डोनाल्ड ट्रम्प हांणी सांगलें.

प्रजासत्ताक दीस परेड -

प्रजासत्ताक दीसच्या परेडित, अंदु भारताची सांस्कृतीक विविधताय आनी लश्करी पराक्रम दाखोवपाचो आसा. तातूंत संविधान चालीक लायिल्ल्याची 75 वर्सां आनी जन भागीदारीचेर खासा लक्ष केंद्रीत केलां. अंदू इंडोनेशियाचे राष्ट्राध्यक्ष प्रबो-वो सुबियांतो हे परेडीत, मुखेल सोयरे म्हूण निमंत्रीत आसात. नवी दिल्लींत मिडियाक संबोधीत करतना, संरक्षण सचीव राजेश कुमार सिंग हांणी जाहीर केलें की, भारतीय सशस्त्र दळाच्या पंगडां वांगडा, इंडोनेशियाचो 160 वांगड्याचो मार्चिंग पंगड आनी 190 वांगड्याचो बँड पंगड, कर्तव्य मार्गाचेर जावपी, परेडांत वांटो घेतलो.

दिल्ली विधानसभा -

दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेची उमेदवारी फाटीं घेतल्या उपरांत, वट्ट 70 सुवातांखातीर 699 उमेदवार, वेंचणूक रिंगणात उरल्यात. काल नामांकनां फाटीं घेवपाची, निमाणी तारीक आशिल्ली. सगळ्यांत चड 23 उमेदवार, नवी दिल्ली विधानसभा मतदारसंघांत जाल्यार सगळ्यांत उणे पांच उमेदवार पटेल नगर आनी कस्तूरबा नगर सुवातींचेर आसात.

वीपी रायपूर - 50

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर आयज, छत्तीसगडाची राजधानी रायपूराच्या  भोंवडेर वतले. ह्या भेटी वेळार उपराष्ट्रपती धनखड, नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी, एनआयटी रायपूर, इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी (आयआयटी) भिलाई, इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅनेजमेंट (आयआयएम) रायपूर हांगाच्या विध्यार्थ्यांक "Ideas for building Better Bharat" ह्या विशयाचेर, मार्गदर्शन करतले."

महाकुंभ -

परराश्ट्र मंत्रालय आनी उत्तर प्रदेश सरकाराच्या वरिश्ठ अधिकाऱ्यांनी, भायल्या पत्रकारां कडेन परस्पर संवादात्मक सत्र घेवन, चालू आशिल्ल्या महाकुंभ 2025 च्या वेगवेगळ्या आंगां विशीं चर्चा केली. अधिकाऱ्यांनी ह्या कार्यावळीच्या आध्यात्मिक, संस्कृतीक आनी अर्थीक म्हत्वाची, म्हायती दिली. काल नवी दिल्लींत ही कार्यावळ जाली. ह्या संवादांत उत्तर प्रदेश सरकाराच्या प्रतिनिधींनी, महाकुंभ 2025सात हाजीर रावपाच्या मळार, ही संवसारातली मुखेल कार्यावळ जावपाची आसा, हाचेर भर दिलो.

पीएम जनमन -

केंद्रीय आदिवासी वेव्हार मंत्रालय आयज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमात, पीएम जनमनाचेर, डीएमांची राष्ट्रीय परिशद घडोवन हाडटलें. आदिवासी वेव्हार मंत्री जुआल ओराम आनी आदिवासी वेव्हार राज्यमंत्री दुर्गादास उइके, हे परिशदेक हाजीर रावतले. गांवगिरो वाठार उदरगत (आवास आनी रस्ते), वसतीघर (शाळा), पिवपाचें उदक, आंगनवाडीचें कार्यान्वयन, आनी बहुउद्देशीय केंद्रां चालीक लावप, अशा स मुळाव्या वाठारांनी परिशदेचें लक्ष आसतलें. सुदारणा करपाची म्हत्वाची शक्यताय आशिल्ल्या जिल्ह्यांनी, उत्तम पद्दती आनी प्रगती सुलभ करप, हो हे परिशदेचो हेत आसा.

**MP AKASHVANI- WILDLIFE ANIMALS - 45**

मध्य प्रदेशांतल्या रानवटी जनावर आनी मनशां मदलो संघर्श टाळपाक आकाशवाणीचो म्हत्वाचो वांटो निभायता. हत्ती, वाग, बिबटो सयत रानवटी

जनावरांच्या हालचाली विशीं लोकांक सावधान करून आकाशवाणी शहडोल नवी भुमिका करता. हाका लागून मनीस-जनावर संघर्श आनी ताचे कडेन संबंदीत अपघात जावचे नात.

Science - 65

पुडुचेरीच्या ओल्ड पोर्ट ग्राउंडचेर आयज दक्षिण भारत विज्ञान मेळावो 2025 सुरू जातलो. पुडुचेरीचे नायब राज्यपाल लेफ्टनंट गव्हर्नर के. कैलाश्नाथन ह्या मेळाव्याचे उक्तावण करतले. मुख्यमंत्री एन. रंगसामी, विधानसभा अध्यक्ष सेल्वम आर आनी शिक्षण मंत्री ए. नमस्सिवायम उक्तावण सुवाळ्याक हाजीर आसतले. पांच दिसांची ही कार्यावळ पुडुचेरीच्या शाळा शिक्षण संचालनालयान बेंगळुरूच्या विश्वेश्वराय उद्देगीक आनी तंत्रीक संग्रहालयाच्या सहकार्यान घडोवन हाडल्या. ह्या वर्साचो विशय आसा शाश्वत भविष्याखातीर विज्ञान आणि तंत्रज्ञान.

**TRAINS DELAYED - 75**

देशाच्या उत्तर वाठारांत धुक्यालागून जायत्या गाडयांच्या वाहतुकीचेर परिणाम जाला. भारतीय रेल्वेच्या म्हणण्या प्रमाण दिल्लीक वचपी सुमार 10 गाडयो उसरां चलतात. तातूंत दुरोंतो एक्सप्रेस, फराक्का एक्सप्रेस, कैफिएट एक्सप्रेस आनी संपर्क क्रांती हांचो आस्पाव जाता. प्रवाशांनी गाडयो चडपा खातीर स्टेशनाचेर येव्च्या पयलीं तांची ताजी स्थिती तपासपाचो सल्ला दिल्या.

टेनिस -

ऑस्ट्रेलियन ओपन टेनिस सर्तींच्या, क्वार्टर फायनलींत मिश्र दोट्टी सर्तींत, आयज सकाळीं मेलबर्नांतल्या शो कोर्ट एरिना हांगा, रोहन बोपन्ना आनी झांग शुआय हांची भारत-चीन जोडी, जॉन पीयर्स आनी ओलिव्हिया गाडेकी ह्या ऑस्ट्रेलियन जोडये आड झुजतली. दादल्यांच्या एकोड्या सर्तींत आयज, रॉड लॅव्हर एरिना हांगा, सर्बियेचो सध्याचो ऑलिंपिक चॅम्पियन नोवाक जोकोविच आनी चार फावटीं ग्रॅण्ड स्लॅम विजेतो स्पेनचो कार्लोस आल्काराझ, हांचो खेळ जातलो.

आयसीसी क्रिकेट -

आयसीसी 19 वर्सां सकयल्या, बायलां क्रिकेट टी-20 विश्वचषकाचे दुसरे आवृत्तींत, आयज कुआलालंपूरांतल्या बायुएमास ओव्हल स्टेडियमाचेर, अ गटांतल्या मॅचींत, डिफेंडिंग चॅम्पियन भारत, यजमान मलेशिया आड खेळटले. ही मॅच दनपारां सुरू जावपाची आसा.

IMD - 85

अस्तंत हिमालयाच्या वाठारांत आयज तुरळक पावस आनी बर्फ पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. फुडल्या दोन ते तीन दिसांत पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, राजस्थान आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशात गडगड मारून पावस पदपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण मन्नाराच्या आखातांत आनी लागसारच्या श्रीलंकेंत व्हांवपी चक्रीवादळाक लागून फुडले दोन दीस तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहे हांगा हळुवार ते मध्यम पावस पडूं येता. फाल्यां सकाळीं अस्तंत बंगाल, सिक्किम, ओडिशा आनी देशाच्या उदेंत राज्यांतल्या उदेंत उत्तर प्रदेश, उपहिमालय आनी गंगेटिक वाठारांचेर दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- डोनाल्ड ट्रम्प हांणी आपल्या दुसऱ्या कार्यकाळा खातीर, अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष म्हणून, घेतलो सोपूत. अमेरिकेचो भांगराळो काळ सुरू जाता, अशे केले जाहीर. काल जायत्या कार्यकारी आदेशांचेर केली सय.

- प्रजासत्ताक दीसाच्या परेडित, अंदु भारताची सांस्कृतीक विविधताय आनी लश्करी पराक्रमाचे जातले प्रदर्शन.

- दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेची उमेदवारी फाटीं घेतल्या उपरांत, वट्ट 70 सुवातांखातीर 699 उमेदवार, वेंचणूक रिंगणात उरल्यात.

- ऑस्ट्रेलियन ओपन टेनिसच्या, क्वार्टर फायनलींत मिश्र दोट्टी सर्तींत, आयज सकाळीं रोहन बोपन्ना आनी झांग शुआय हांची भारत-चीन जोडी, जॉन पीयर्स आनी ओलिव्हिया गाडेकी ह्या ऑस्ट्रेलियन जोडये आड झुजतली.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो, आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे साडे स वरांचेर. नमस्कार